आकाशवाणी

पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :07/02/2025 7.20 pm

आता परतून मुखेल खबरो

1 हरीत कराच्या माध्यमांतल्यान मेळपी निधी हो फुडाराक अक्षय उर्जेकउर्बा दिवपाखातीर खर्च करतले अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी विधानसभेंत सांगलें.

2 येता त्या स म्हयन्यां भीतर गोंय जैवविविधताय मंडळा कडल्यान गोंयातल्या सगळ्या मीठागरांचें सर्वेक्षण जातलें अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां

3 24 वरा उदका पुरवण करप शक्य नासले तरी 4 वरा उदक दिवपाचे यत्न सरकार करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला.

4 मुरगऑान बंदर प्राधिकारणन ना हरकत दाखलो दिल्या उपरांत वास्को जेतीचे काम सुरू जातले अशी म्हायती नुसतेमारी खात्याचे मंत्री निळखणठ हरणकार हाणी दिल्या.

5 भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान **तंबाकू उत्पादनां आनी ई-सिगरेटच्या विक्री बाबतीत राज्यांक नवीन सुचोवणी**

जारी केल्या .

हरीत कराच्या माध्यमांतल्यान मेळपी निधी हो फुडाराक अक्षय उर्जेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर साधन सुविधा उभारपा खातीर खर्च करतले अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी प्रस्नोत्तर वरा वेळार विधानसभेंत सांगलें.

सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण कोळसो येरादारी करपी कंपन्यांकडल्यान 50 टक्के हरीत कर वसूल केला अशी जाप मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी दिली. आता मेरेन 297 कोटींचो कर वसूल जाला. सर्वोच्च न्यायालयांतलो खटलो निकालांत आयले उपरांतूच 100 टक्के कर वसूल करतले अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. हे प्रकरण सध्या सर्वोच्च न्यायालयात आसुन ताचेर भाश्य करप योग्य जायना अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले .

विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी हें विशीं आयज विधानसभेत प्रस्न उपस्थित केल्लो. कोळसो येरादारी खातीर 2012त लागू केल्ल्या हरीत कराचे हजारांनी कोटी रूपया जिंदाल, जेएसडब्ल्यू आनी हेर कंपन्यांनीं भरूंक नात. हो व्हडलो घोटाळो आशिल्ल्याचो आरोप ह्या वेळार युरी आलेमांव हांणी केलो. सभाघर समिती स्थापन करून ह्या प्रकरणाची चवकशी करची अशीय मागणी तांणी केली. जो पर्यंत संबंधित कंपमी सरकाराक हरीत कर फारीक करीनात तो मेरेन गोंय प्रयावरण खात्यान सा कंपनीचे काम बंद उडोवचे अशीय मागणी तींणी ह्यावेळार केला.

येता त्या स म्हयन्यां भीतर गोंय जैवविविधताय मंडळा कडल्यान गोंयातल्या सगळ्या मीठागरांचें सर्वेक्षण जातलें अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां. गोंयच्या मिठागरांनीं तयार जावपी मीठाची राज्यांतल्या उद्देगांक पुरवण करतले अशें तांणी आयज विधानसभेंत आमदार विरेश बोरकार हांच्या प्रस्नाक जाप दितनां प्रस्नोत्तर वरां वेळार सांगलें.गोंयातली मीठागरां दायज स्थळ तशेच पर्यटन सुवात म्हूण जाहीर करपाचे आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां . सराकराकडे आशिल्लाय म्हायती प्रमाण सध्या कोरगांन, नेरुळ,

आगरवाडा, तशेंच रायबंदर हांगा मिठाची आगरा आसाता अशी नोंद आसात. सिवाय आनीक खंय जर अशी मीठाची आगरा आसत जाल्यार तांका लेगीत ह्या अहवालात आसपावन घेवन तांच्या संवर्धनाविंसी सरकारा काम सुरु करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्र्यान सभाघराक दिला. मीठागराचे संवर्धन करतना केंद्र सराकरावतीन राबोवपी नमक आवाज येवजणेचो लाव गोंयच्या मीठागरांनी काम करपी मनशांक मेळोवन दिवपाखातीर सरकारान यत्ज्ञ करचे अशी मागणी ह्यावेळार आमदार विरेश बोरकार हांणी केला. आपल्या मतदारसंघाटल्या भाटी गांवातूच 40 सुमार मीठ काडपी शेतकार आशिल्ल्याचें आमदार विरेश बोरकारान सांगलें. तेन्ना भाटी गांवचे सर्वेक्षण सारकें करूंक नाशिल्ल्याचें बोरकार हांणी सभाघराचे नदरेक हाडून दिलें.

24 वरा उदका पुरवण करप शक्य ना, मात 4 वरा उदक दिवपाचे यत्न सरकार करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री तशेंच भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला. 2026 मेरेन उदका पुरवणीचो प्रस्न पुरायपणान सुटावो जातलो अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला. तशेंच दर्यादेग वाठारातलो उदका पुरवणीचो प्रस्न ह्या वर्सामेरेन सुटावो करतले अशेय ताणी सांगले . गोयात उदका पुरवण सारखी जायना मागीर हर घर जल येवजणीचो फायदो तरी कीते असो प्रस्न सत्ताधारी पक्षातले तशेंच विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांनी लांवन धरील्लो. उदका पुरवण सारखी करपाक वेगवेगळ्यो साधन सुवाधा तयार करपाचे काम सुरू जाला अशीय म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी दीला.

मडगावात सारस्वत अन्न आनी सांस्कृतिक महोत्सवाक सुरुवात

मडगाव: गोवा सारस्वत समाज हांणी घडोवन हाडिल्ल्या तीन दिसांच्या सारस्वत अन्न आनी सांस्कृतिक महोत्सवाक आयजसावन मडगावात सुरुवात जाल्या. मडगावच्या एसजीपीडीए मैदानाचेर घडोवन हाडिल्ल्या ह्या महोत्सवाक गोंय

सरकारच्या कला आनी संस्कृती खात्याचो पालव लाबला. सध्या हो महोत्सव चालू आसा. आयतार ९ फेब्रुवारीमेरेन तो चलतलो.

ह्या महोत्सवानिमित्तान वेगवेगळ्या सर्तींचे आयोजन केल्ले आसून आतामेरेन कोयरांतले फूल, फुलांची सोबीतकाय, रंगीत संगीत भेस ह्यो कार्यावळी पुराय जावन सध्या नाचाची सर्त चालू अासा. ल्हान आनी व्हड अशा दोन गटांमदी ह्यो सर्ती चालू आसात. फाल्या शेनवारा ह्या महोत्सवात हुशार विद्यार्थ्यांचो भौमान जातलो. जाल्यार आयतारा सारस्वत कुमारी, सारस्वत कुमार आनी मिस्टर अॅण्ड मिसेस सारस्वत ह्यो सर्ती जावन सारस्वत फॅशन शो जावन हो महोत्सव सोपतलो. ह्या महोत्सवाच्या सुवातीचेर वेगवेगळ्या सारस्वत खाणाची स्टॉला उबारिल्ली आसून लोक ह्या खाणाचो आस्वाद घेतात.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सगळीं राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक सिगारेट आनी हेर तंबाकू उत्पादनां विशी नवीन सुचोवणी जारी केल्या .वखदां आनी सौंदर्यप्रसाधनां कायदो 1940 अंतर्गत मान्यताय आशिल्ली उत्पादनां सोडून तांच्या अधिकारक्षेत्रात ई-सिगारेट, हीट-नॉट-बर्न उपकरणां, व्हेप, ई-शीशा, ई-निकोटीन फ्लेवर्ड हुक्का आनी निकोटीन वितरणाची शक्यता आशिल्ल्या अशा तरेच्या उपकरणां सयत कसल्याय इलेक्ट्रॉनिक निकोटीन वितरण प्रणालीची ऑनलायन विक्री सयत उत्पादन, वितरण, वेपार, आयात, विक्री आनी जायरात जावची ना, हाची खात्री करची. भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान आदीच सगळीं राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक COTPA, 2003 आनी PECA, 2019 कायद्याची कडक अंमलबजावणी करपा खातीर सुचोवणी केल्ली आसा.

कुंकळ्ळे उद्देगिक वसणुकेनी फीश मिल तशेंच स्टील प्लान्टा कंपनीकडल्यान हानीकारक रसायना उदकाच्या स्त्रोतांनी तशेचं उक्त्यार सोडील्यान तळाव्या लोकांच्या भलायेकचेर परीणाम जांवक लागाल. ह्या ळाटारातल्या लोकांक स्वास

घेवपाक त्रास जावपाचे दुयेस, तशेंच कातीची दुयेसा, अस्थमा, किडनी फेल जावप, सायनस, श्रयरोग, सोरायसिस सारखी दुयेसा, तशेचं धुळीचे प्रदुसमाक तोंण दिवचे पडटा . सराकारान संबंदित प्लानंटांचेर कारवाय करीत जाता तितल्या बेगीन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी लक्षवेध ी सुनेवेळार केला. ह्या रसायनातल्यान नायट्रेट तशेंच फोसफोरेस तारशी रसायना जमनी तशेचं उदकाची स्त्रोता दुशित करता ,तशेच ं वाऱ्याचे प्रदुसण सुद्दा हांगा मोठ्या प्रमाणात जाता ्से युरीन सबाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

आता परतून मुखेल खबरो

1 हरीत कराच्या माध्यमांतल्यान मेळपी निधी हो फुडाराक अक्षय उर्जेकउर्बा दिवपाखातीर खर्च करतले अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी विधानसभेंत सांगलें.

2 येता त्या स म्हयन्यां भीतर गोंय जैवविविधताय मंडळा कडल्यान गोंयातल्या सगळ्या मीठागरांचें सर्वेक्षण जातलें अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां

3 24 वरा उदका पुरवण करप शक्य नासले तरी 4 वरा उदक दिवपाचे यत्न सरकार करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला.

4 मुरगऑान बंदर प्राधिकारणन ना हरकत दाखलो दिल्या उपरांत वास्को जेतीचे काम सुरू जातले अशी म्हायती नुसतेमारी खात्याचे मंत्री निळखणठ हरणकार हाणी दिल्या.

5 भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान **तंबाकू उत्पादनां आनी ई-सिगरेटच्या विक्री बाबतीत राज्यांक नवीन सुचोवणी**

जारी केल्या .

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे  मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार